०८०९२०25 6.30 PM

मुर्मू 45

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी आज नागरिकाक परत एकदा भारताक जागतिक व्यवसाय आणि ज्ञानाचे केंद्र करपाचे आवाहन केले. कोविड काळात आत्मनिर्भर भारता खातीर घाल्ली बुन्याद सतत यशस्वी जात अशे ताणी म्हणले.

जागतिक अस्थिरतेचा राष्ट्रीय अर्थव्यवस्थेर कमीत कमी परिणाम जाणवतलो अश्या आत्मनिर्भर भारताची एक महत्त्वाची परिमाणा आसची, अशेय ताणी म्हळे

रिजिजू 100

भाजप संसदीय पक्षान नवी दिल्लीत पक्षाच्या खासदारांच्या कार्यशाळेत फुडारातल्या पीळगेच्या जीएसटी सुधारणां वेलो थाराव एकमतान मंजूर केला वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हांनी सादर केल्या या थारावात प्रधान मंत्रयांच्या या धाडसी आणि नागरिक-अनुकूल निर्णयाबद्दल अभिनंदन केले आणि लोकांचे आभार मानले. या थारावात उत्पादक आणि व्यापाऱ्यांक जीएसटी दर कपातीचो लाभ ग्राहकांक दिवपाचे आवाहन केले.प्रधान मंत्री मोदी आज भाजप खासदारांच्या प्रशिक्षण कार्यक्रमाच्या समारोप सत्रात उलयतले. संसद संकुलात बालयोगी सभागृहात काल दोन दिसांची कार्यशाळा सुरू जाली. कार्यशाळे वेळार, फाल्या जावपी उपराष्ट्रपती वेचणुके खातीर मतदान प्रक्रियेचे मूलभूत प्रशिक्षण भाजप खासदारां कय दितले. कार्यशाळेच्या पयल्या दिसा उपरांत हेविशी माध्यमांकडे संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू उलयले बायट

गोयल 120

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी वेवसायांनी स्वदेशी उत्पादनांचेर लक्ष केंद्रीत करपाचेर भर दिला, कारण हाका लागून भारताचे विकासाकच मजत जातलीच पूण देशाची अर्थीक सुरक्षीतताय घटमूट जातली. आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या 56व्या ईईपीसी इंडिया राष्ट्रीय पुरस्कार सुवाळ्यात उलयताना गोयल हानी सांगलें,कि जागतीक परिस्थितींत आव्हानां निर्माण जालीं तरी भारत एक राष्ट्र म्हणून एकवटीत आसा. तशेंच 15 ऑगस्टाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हानी देशी उत्पादनां खातीर स्पश्ट उलो मारला, तातूंत तांणी नवनिर्माणाचें म्हत्व अधोरेखित केल्लें असोय उगडास तांणी केलो. देशांतले 1.4 अब्ज लोक, वेवसाय आनी वेपार

मेड इन इंडिया उत्पादनांचेर लक्ष केंद्रीत करपाक जाय अशें गोयलान सांगलें. देशाची तांक वेपार आनी देशांतल्या वेवसायांची फाटीचो कणो आशिल्ल्या एमएसएमई क्षेत्राचेर आदारून आसा अशेंय तांणी स्पश्ट केलें. जीएसटीचे दर उणे करून आनी सोपे करून प्रधानमंत्री मोदी हाणी  देशांतल्या मागणीक चालना दिल्या अशें मंत्र्यान   सांगलें.

GST 60

जीएसटी वाढी खातीर आज सकाळी देशांतर्गत शेअर बाजारातलो बेंचमार्क इक्विटी निर्देशांक, सेन्सेक्स आणि निफ्टी हे माफक प्रमाणात वाढले. निमणो अहवाल आयलो तेन्ना सेन्सेक्स २४९ अंकांनी वाढून ८० हजार ९६० र पावलो आणि निफ्टी ८५ अंकांनी वाढून २४ हजार ८२६ र पावलो. क्षेत्रीय आघाडीर, ऑटो, मेटल आणि पीएसयू बँक सर्वाधिक वाढले. दुसरीकडे, आयटी पॅक, कंझ्युमर ड्युरेबल्स आणि हेल्थकेअ रात विक्री दिसून आयली.

स्पोर्ट्स 40

बुद्धिबळात, भारताच्या दिव्या देशमुखान उझबेकिस्तानात जाल्या FIDE ग्रँड स्विस २०२५ च्या उक्त्या गटात तिचे पयले जैन जोडले. काल  चौथ्या फेरयेत इजिप्तच्या GM बसेम अमीनचो .ताणे पराभव केलो. हालीच FIDE विश्वचषक विजेतेपद पटकावपी दिव्यान सिसिलियन डिफेन्सात तिच्या उच्च दर्जाच्या प्रतिस्पर्ध्याक हारायले.

हवामान 50

भारतीय हवामान खात्यान आयज गुजरात आनी राजस्थानांतल्या काय  सुवातिनी पावस पडटलो असो अदमास उक्तायला. मध्य प्रदेश, ओडिशा, उपहिमालय अस्तंत बंगाल, सिक्किम, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी उत्तराखंड ह्या वाठारांनी आयज व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा. फुडल्या तीन दिसांत जम्मू, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, मध्य महाराष्ट्रांतय हळुवार ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.